# धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान जागृताय शिबीराचें आयोजन

ता. 11 जून 2025

देशांतल्या आदिवासी समाजाचो सर्वांगिण विकास करपाच्या उद्देशान भारत सरकारान धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान येवजण सुरू केल्या. केंद्र सरकाराच्या 17 मंत्रालयांच्या सहकार्यान आदिवासी समाजाच्या सर्वांगिण विकासा खातीर हे येवजणे खाला 25 उपक्रमं राबोवपात येतात. हे अभियान देशांतली 25 राज्यां आनी 4 संघप्रदेशांनी चालू आसा.

धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान हे आदिवासी समाजाचो विकास आनी सशक्तिकरणा खातीर भारत सरकारान सुरू केल्लो उपक्रम आसा. आदिवासी समाजा मदल्या उणींवांची तफावत पयस करून समाजाच्या सामाजीक-आर्थिक विकासाक चालना दिवपाक शाश्वत आनी समावेशक फुडाराची बुन्याद घालप आनी विकसीत भारत 2047 चे व्हिजन पुर्ण करपाक हातभार लावप हो अभियानाचो उद्देश आसा.

आदिवासी वाठारांतल्यो मुळाव्यो सुविधा, भलायकी, शिक्षण आनी उपजिवीका ह्या क्षेत्रातलो उणाव भरून काडपा खातीर धरती आभा जानजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान सर्वसमावेशक उदरगत चालीक लायता. केंद्र सरकाराच्यो वेगवेगळ्यो येवजणयो एकठांय हाडून समग्र, शास्वत आनी सर्वसमावेशक वाड ह्या घटकांचो आस्पाव करून आदिवासी समुदायाचे उदरगतीचेर भर दिता.

हे येवजणे खाला आदिवासी समुदायांक सुरक्षीत घरां, नितळ पिवपाचे उदक, नितळसाण आनी भलायकी सविधां, दर्जेदार पुश्टीक आहार आनी शिक्षणीक सुविधां, लायट आनी सौर उर्जा सविधां, रस्ते, टेलेकॉम कनेक्टीव्हीटी आनी हेर येवजणांचो लाव दिवन तांच्या शाश्वत उदरनिर्वाहाची खात्री दितात. आदिवासी समाजाची समावेशक उदरगत आनी सुदारणेचेर भर दिवन विकसीत भारत 2047 आनी समाज कल्याणाचे उद्दीश्ट पुराय करपा खातीर प्रयत्न चालू आसात.

धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियानाविशीं आदिवासी समाजामदी जागृताय करपा खातीर उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालया वतीन 15 ते 30 जून 2025 मेरेन जागृताय कार्यावळीचें आयोजन करपात येतले. होंडा ग्रामपंचायत, सत्तरी, पाळे-शिरदोण ग्रामपंचायत, तिसवाडी आनी भिरोंडा ग्रामपंचायत, सत्तरीच्या नागरिकांनी ह्या अभियानाचो लाव घेवचो अशें आयोजकांनी मागला.

मजगती, सत्तरीच्या उपजिल्हाधिकारी कार्यालयांत 14 जून 2025 दिसा रानां हक्क दावे निकालात काडपा खातीर शिबीराचे आयोजन केला. सकाळी 9.30 वरा सावन शिबीराक सुरवात जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/532

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.